**एससी/एसटी आयोग अध्यक्षांच्या नुतनीकरण चेंबराचे उक्तावण**

ता. 13 जून 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पाटो पणजी हांगाच्या श्रमशक्ती भवनात गोंय एससी/एसटी आयोगाच्या अध्यक्षांच्या नुतनीकरण केल्ल्या चेंबराचे उक्तावण केले.

सभापती श्री. रमेश तवडकर, गोंय राज्य अनुसूचीत जमाती वित्त आनी विकास आयोगाचे अध्यक्ष श्री. वासुदेव मेंग गांवकर, गोंय एससी/एसटी आयोगाचे अध्यक्ष श्री. दीपक करमलकर आनी आर्किटेक्ट इंजिनीयर श्रीमती स्नेहा सबनिस आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान प्रत्येक नागरिकाक समान हक्क आनी न्याय दिवपाक सरकार बांदील आशिल्ल्याचें म्हणलें. गोंय एससी/एसटी आयोगाकडेन येवपी कागाळींविशीं जागृताय करपाची गरज आसून रानां हक्क सारखे दावे बेगीनात बेगीन निकालात काडून मागास समाजातल्या लोकांक न्याय दिवपाखातीर संबंदीत यंत्रणांनी आपल्या कामाक गती दिवपाक मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

सभापती श्री. रमेश तवडकर हांणी सगळ्या एससी/एसटी लोकांक न्याय दिवपाखातीर आयोग काम करता अशें सांगून आयोगाच्या कामाविशीं गांव पांवड्याचेर जागृताय जावपाची गरज उक्तायली.

श्री. दीपक करमलकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. आदिवासी कल्याण खात्याच्यो संचालिका श्रीमती त्रिवेणी वेळीप हांणी निमाणे उपकार मानले. पालवी संचालक श्रीमती योगीनी आचार्य हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/404

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji